# डॉ. आंबेडकर सामाजिक पुरस्काराखातीर अर्ज

ता.29 मार्च 2018
8 चैत्र 1940

राज्य सरकारच्या समाज कल्याण खात्यान 25 वर्सा वा चड काळामेरेन अनुसूचित जातीच्या कल्याणाखातीर काम करपी व्यक्तीकडल्यान डॉ. आंबेडकर सामाजिक पुरस्काराखातीर (पयलीचो दलीत पुरस्कार आनी दलीत मित्र पुरस्कार) अर्ज मागल्या. 14 एप्रिल 2018 दिसा डॉ. बाबासाहेब आंबेडकर जयंती दिसा रोख 25,000/-, शाल, श्रीफळ आनी प्रशस्तीपत्र स्वरूपात पुरस्कार भेटयतले.

अनुसूचित जातीतल्या घटकांचे सामाजिक, आर्थिक, शैक्षणिक जीणेचो दर्जो वाडोवपाखातीर काम करपी व्यक्तीक प्रोत्साहन दिवप हो हे येवजणेचो उद्देश आसा. हया पुरस्काराखातीर 60 वर्सा पिरायेवयली गोंयकार व्यक्ती अनुसूचित जातीच्या कल्याणाखातीर फाटले 25 वर्सा काम करपी आसपाक जाय.

इत्सूक व्यक्तींनी अर्ज आनी चड म्हायती खातीर समाज कल्याण संचालनालय, पणजी, फोन नं. 2223784/2232257 हांगा संपर्क करचो. पूर्ण भरिल्ले अर्ज आवश्यक दाखल्यासयत स्वीकारपाची निमणी तारीख 5 एप्रिल 2018 आसा.